गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो माळो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळ:http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक 12, वर्स 2018**

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात. अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 28.12.2018 आसा. ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशे ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार,"सुचोवण्यांनी" नमुद केल्ल्या प्रमाणें मुलाखतीक आपोवंक, आयोग उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

## I.गोंय वैजकी महाविद्यालय

**1. शरीर विज्ञानशास्त्रांत सहाय्यक व्याख्यातो (Assistant Lecturer in Physiology) .... 1 पद**

**वेतन श्रेणी:**रु.15,600-39,100+5400/-(पूर्व-सुदारीत)(सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें)

**पिराय-** 45 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:**(i)भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13(3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii)कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:**–(i)संबंदीत विशेशतायेंत पदव्युत्तर पदवी खातीर नोंदणी केल्ली आसूंक जाय. (ii) मराठीचें गिन्यान.

## II. मानसोपचार आनी मनीस वागणूक संस्था

**2.मानसोपचार समाज सेवेंत सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant Professor in Psychiatric Social Work )......1 पद**